Panaji Regional 24th April 2026 7.25 am

Sushant –
पुराय गोय राज्यात कोयराची समस्या जावची न्हय हे खातीर पुराय राज्यातल्या कोयराचो विलो लावपाचे काम घनकचरो खात्यावतीन सुरू करतले अशें मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी सांगले.
मडगावा सोनसोडो वाटारात साडे सात कोटी रुपयां खर्चून उभारिल्ल्या कोयर गॅसिफकेशन प्रकल्पाचे काल मुखेलमंत्र्यां हस्तुकी उक्तावण जाले. गोयांतली प्रत्येक नगरपालिका आणि पंचायत वाठार निवळ दवरपाखातीर सरकार योग्य ती तजवीज करतले अशें उतर ताणी ह्यावेळार दिले. ह्या वेळार भौशीक बांधकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत, फातोर्डाचे आमदार विजय सरदेसाय, कुडतरीचे आमदार ॲलेक्स रेजिनाल्ड लॉरेन्स, नावेलीचे आमदार उल्हास तुयेकार, मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार तशेच हेर मानेस्त हजर आसले. मंत्री दिगंबर कामत तशेच आमदार विजय सरदेसाय आणि ॲलेक्स रेजिनाल्ड लॉरेन्स हांचीय ह्या वेळार उलोवपा जाली.

Ganesh –
शिरगावच्या लयराय देवीच्या जात्रेत फुडल्या वर्सा लेगीत अशेच प्रकारचे निर्बंद आनी खर सुरक्षा वेवस्था आसतली. पयलेच दिसा निर्बंद आसतलें, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलां. देवी लयरायेचे आशीर्वाद आनी वेवस्थापन हाका लागून अंदूचो जत्रोत्सव निर्विघ्नपणान पार पाडलो. माका ह्या गजालीचे समाधान आसा, अशें मुखेलमंत्र्यांनी म्हणला.  उत्तर गोंय जिल्होधिकाऱ्यांच्या फुडारपणाखाला मामलेदार, पोलीस हांचो पंगड रातभर नदर दवरून आशिल्लो. गर्दीचेर नियंत्रण दवरपा खातीर पयली सावन नियोजन केल्ले. देवी लयरायेच्या आशीर्वादान हे फुडें लेगीत जात्रा अशीच निर्विघ्नपणान पार पडची, अशी प्रार्थना मुखेलमंत्री सावंत हांणी केल्या. शिरगाव जात्रे खातीर आता निर्बंध शिथील केल्या. पयले दिसा उपरान गर्दी उणी जाता. हाका लागून वेवस्थापना खातीर स्थापन केल्लो नियंत्रण कक्ष बंद जाला. सीसीटीव्ही कॅमेरे आसा. सीसीटीव्ही कॅमेऱ्यांची फुटेज आता देवस्थान समितीक वता, अशी म्हायती उत्तर गोंयचे जिल्होधिकारी अंकीत यादव हांणी दिली.

DIP –

गोंय सरकाराच्या कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालयान आज उत्तर गोंयांत दिवचले सरकारी आयटीआय त सकाळी 10.00 वरा सावन प्रधानमंत्री राष्ट्रीय अप्रेंटीसशीप मेळाव्याचें आयोजन केला. अप्रेंटीसशीप मेळाव्यात साबार भौशीक/खाजगी आस्थापनां सहभागी जावपाची अपेक्षा आसा.

इत्सुक आयटीआय उमेदवार आनी हेर थळाव्या युवकांनी नावनोंदणी आनी आपले करियर घडोवपाक ह्या संदीचो लाव घेवपा खातीर सकाळीं 10.00 वरांचेर मेळाव्याच्या थळार हजर रावचे अशे कळीत केला.

Verna –

गोंय मनीसबळ उदरगत संस्थे वतीन काल वेर्णा उद्देगिक वसणुकेत जॉब फेराचे आयोजन केले. ह्या उपक्रमात २५ कंपनीनी वाटो घेतलो. जाल्यार नोकरी मेळोवपाखातीर राज्यातल्या ६ हजार तरणाट्यांनी हांतुनो नांव नोंदणी केली.

Petrol –

गोंयांत पेट्रोल, डिझेल आनी एलपीजी गॅसाची उपलब्धताय स्थिर आसा, आनी सध्याची मागणी पुराय जातली इतली आसा, अशी म्हायती गोंय सरकारच्या नागरी पुरवण खात्याचे सचीव संजीव गडकर हांणी दिल्या. गोंयांतल्या भौशीक मळावयल्या तेल विपणन कंपन्यांनी आनी गोंय सरकारच्या नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार संचालनालयान पर्वरे राज्य सचिवालयांत, जोडपणान आयोजित केल्ल्या पत्रकार परिशदेंत ते उलयताले.

राज्यभर पेट्रोल आनी डिझलाची अखंड पुरवण जायत रावतली, हाची खात्री कंपन्यो करतात, अशी म्हायती गोंयांतल्या तेल कंपन्यांचे (ओएमसी) राज्यस्तरीय समन्वयक मधुरेंद्र पांडे हांणी दिल्या.

CM -

गोंयचे मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हांच्या वाढदिसाच्या निमित्तान आयज साखळे रवींद्र भवनात एका दिसाचे आयुर्वेद भलायकी शिबिर आयोजित केला. हातुत वेगवेगळ्या रोगासंबंधी जनजागृती तशेच तपासणी करुन ताचेर योग्य उपचार दिवपा संदर्भात तज्ञ डॉक्टर मार्गदर्शन करतले.

गोंयचे मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हांचो आयज भव्य वाढदिस सुवाळो सांजवेळ 5 वरांसावन सांखळे रवींद्र भावनात जातलो. तांच्या वाडदीसा निमतान वेगवेगळ्या कार्यावळीचे आयोजन केला.

Weather –

आज राज्यांतलें चडांत चड तापमान 3५ ते 36 अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणें तापमान 25 ते 26 अंश सेल्सियस मदीं उरतलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

IPL –

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांत चेन्नई सुपर किंग्सान मुंबय इंडियन्साक 103 धांवड्यांनी हारयलो.